# पावसाळा

राजय रमेश पवार

## आमची कांय प्रकाशनां

- फोरेंन जांवय (नाटक)

  ..... एन् शिवदास

- कावळे (एकांकी)

  .....रामदास नायक

- नचिकेता (कविता)

  ..... डॉ. दयानंद राव

- पारजत परमळ (ललित निबंध)

  ..... डॉ. उमानाथ रातावोली

- वळेसर (ललित निबंध)

  ..... मुकेश थळी

- बाबू (काणी - भुरग्याखातीर)

  ..... एन्. शिवदास

ता० २४ जुलय ९५

भौमानेस्त,

Prof; Kiran Budkule

हांकां,

म्हेजें
पयलें वयलें
पुस्तक
व्हडा आदरान
भेटयतां

[illegible]



# पा व स फु लां

कविता

राजय रमेश पवार

जैत प्रकाशन



**पावसफुलां** (कविता संग्रह)

**- राजय रमेश पवार**

---

**PAVASFULLAM** (A Collection of Poems)

**- By Rajay Ramesh Pawar**


❒ प्रकाशन क्र. ६

❒ **राजय रमेश पवार**
ढवळी - फोंडें - गोंय
४०३ ४०१.

❒ **पयली उजवाडावणी:**
मार्च १९९५

❒ **उजवाडावपी:**
भिकू बोमी नायक
जैत प्रकाशन
बेतकी माशेल
गोंय ४०३ १०७.

❒ **छापपी:**
श्रीकांत आमोणकार
सम्राट प्रिंटर्स
बाणस्तारी - गोंय.

❒ **मुखचित्र :**
श्रीधर कामत बांबोळकार

❒ **मोल : ३५ रूपया**

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीच्या 'पयलो चंवर'
अनुदान येवजणेखाला छापलां.

आमकां
'फुलां' दिवचेखातीर
'पावस' सोंसपी
म्हजे आवयक
आनी
मावशेक
म्हजें पयलें - वयलें पुस्तक
आदरान आनी मोगान
ओपतां.

: राजय (मुन्ना)

## कविता सर्तिंनीं मेळिल्लीं मानाची कांय इनामां.....

- ❒ कोंकणी भाशा मंडळाच्या "स. बाकीबाब बोरकार" यादस्तिक काव्य सर्तींत - ऑगस्ट १९९४ (पयलें इनाम)
- ❒ कोंकणी अस्मिताय केंद्र, सावयवेरें - जुलय १९९४ (दुसरें इनाम)
- ❒ सरस्वती वाचनालय, पणजी - फेब्रेर १९९४ (दुसरें इनाम)
- ❒ गोमंतकाची अस्मिता, फोंडा - जानेवारी १९९५ (दुसरें इनाम)
- ❒ उदेंतेचे वांगडी, दिवचल - डिसेंबर १९९२ (उत्तेजनार्थ)
- ❒ कोंकणी कला साहित्य केंद्र, कुडचडें - नोव्हेंबर १९९४ (उत्तेजनार्थ)
- ❒ सी. ई. एस. कॉलेज, कुंकळी - डिसेंबर १९९४ (पयलें इनाम)
- ❒ "रसिकरंजन", वास्को - जानेवारी १९९३ (पयलें इनाम)
- ❒ गोमंत कला असोसिएशन, मडगांव - जानेवारी १९९४ (तिसरें इनाम)
- ❒ आमचो पंगड, होंडा - नोव्हेंबर १९९३ (पयलें इनाम)
- ❒ दामोदर कॉलेज, मडगांव हांच्या "श्रीमती सातपूते स्मृतिचिन्ह" कविता सर्तींत सेगीत तीन वसां - डिसेंबर १९९२, सप्टेंबर १९९४, जानेवारी १९९४ (पयलें इनाम)
- ❒ तशेंच कॉलेजींतल्या आनी हेर संस्थांच्या सर्तिंनी जायतीं इनामां मेळयल्यांत.

**कवितांची उजवाडावणी :**

राष्ट्रमत, सुनापरान्त, गोंय दुरदर्शन, पणजी आकाशवाणी आनी हेर विशेशांकांतल्यान कविता उजवाडा आयल्यात.

# आनीक एक पावस!

सद्याक हांव कविता बरयना पूण एका काळार "ऋतु" ह्या सुपुल्ल्या कविता नेमाळ्याचें हांव संपादन करतालों. तेन्ना कोंकणी काव्याकडेन हांव खुबूच संवकळीचो आशिल्लों. अशें जरी आसलें तरी कविता हो साहित्य प्रकार सदांच म्हजे आस्थेचो विशय उरला. चड करून कवितेखाला नवें नांव दिसलें म्हणटकच चत्रायेन ते कवितेचेर नदर गेलेबगर रावना.

म्हज्या शेजरा-पाजरा नवे कवी-कथाकार रूजवणा आयल्यात. ते हांगां-थंय काव्यसर्तिनी वांटो घेवपाक वतात. सर्तिकसावन परत येतकूच हांव तांकां विचारतां, "पयलें बक्षीस कोणें उबारलें?" फाटल्या दोन-तीन वर्सांत म्हज्या प्रस्नांक "राजय पवार" अशीच जाप मेळ्ळ्या. नवोदितांच्या काव्यमळार राजय पवारान तोखणाय करी सारकें नांव कमायलां. फाटल्या तीन वर्सांत ताणे थळाव्या काव्यसर्तिनी सुमार पंदरा इनामां जोडल्यांत.

ह्या भुरग्याविशीं कुतूहल आशिल्लेंच पूण केन्नातरी योग्य वेळार हो भेट्टलो हाची खात्रीय आशिल्ली.

कोंकणी कवितेच्या मळार जांकां परजळीत फुडार आसा अशा कवींचे वळेरेंत आतां राजय पवाराचें नांव रूजू जालां. राजय सभावान नम्र. जिज्ञासू. कळूना ती गजाल "आपणांक कळूना" म्हण प्रामाणिकपणान कबूल करपी. अवघेंच उलोवपी. ह्या ताच्या सभावाक लागून तो चट् करून कोणाच्याय लक्षांत उरलो आनी अचळय काळजांत देवलो जाल्यार अजाप न्हय.

आपणाल्या कविता संग्रहाक प्रस्तावना बरोवपाचो ताणे आग्रो केलो तेन्ना ताका हांवें प्रस्तावना वेळार मेळचीना म्हणपाचो धोको सांगून शिटकायलो पूण तो अखेर मेरेन बदलोना. थीर रावलो. आपल्या निर्णयाकडेन थीर रावपाची ताची ही वृत्ती तागेले कवितेंतूय दिश्टी पडटा. कवितेंत मांडिल्ल्या तागेल्या विचाराक एक थीरताय आसा. चंचळताय ना, विसंगती ना.

संग्रहांत महात्मा गांधीक लेखून दोन कविता आसात. एखाद्रो विचार आपणायतना तो कुड्डेपणान आपणायनासतना आपणाल्या ज्ञानाचे सांणीर तिजून घेवपाची तांक राजयाक आसा.

कावळ्याक भूक लागल्या आसताना कावळो फुडयांत पडिल्लो भाकरेचो

कुडको खावपाक अनमनता तेन्ना कवी म्हणटा -

म्हाका दिसता / ताच्याय मनांत /
प्रस्न उप्रासलो जावंये / " ..... हो
भाकरेचो कुडको / हिंदूचो काय
मुसलमानाचो" /

राजयाचो हो विचार, विचारी मनांक चोंच मारून वता. आयच्या समाजांतले धार्मिक विषमतेचेर तो उपहास पध्दतीन शिरट मारता.

ताची 'प्रस्न' ही कविता आशयाची बसका लाबिल्ली कविता. तातुंतलो राम हो पारंपारिक पुरूश आसा. पूण सीता मात आधुनिक आसा. हे कवितेंतली सूचकता वेधक आसा.

'कॉंक्रिटाच्या जंगलांत' ही नव्या वसाहत युगाची कविता म्हणची पडटली. मनीसपण फळाक येवप म्हणजेच नवो गांव वसोवप असो एक विचार कवी हांगासर मांडटा. कारण घराचें तशेंच गांवाचे वो वसाहतीचें नंदप हें मनीसपणाचे बुन्यादीचेर घडटा.

आमकां वोत लागतकूच झाडाची सावळी जाय आसता पूण झाडाक वोत लागला तेन्ना? गड्ड्यांनी खेळटां खेळटां आपसूक गड्डो मिलांत पडचो तशी तागेली "झाड" ही कविता वाचप्याक अचळय चिंतनांत वडयता.

"घर कोसळूंक पावलां" ही मानवीकरूप धारण केल्ली कविता, काळजांत घर करता. गांवांगांवांनी अशीं कोसळूंक आयिल्लीं घरां आमी पळयतात. कोसळूंक पाविल्लें खंयचेच घर पळयतकूच राजयाचे कवितेची याद आयलेबगर रावचीना. वाचकांचे यादस्तेंत घर करून रावपी अश्यो कविताच कविक जनमानसांत अज्रंवर करतात.

काजुले / पेटोवन कुले / काळखी / कापीत गेले
काळखांतले / आमचे उले / काळखांत / घुस्पत गेले

राजयाची "काजुले" कविता, काजुल्यावरीच तकलेंत विचारांचे कण शिंपडटा. काजुल्याच्या रूपान तो सामान्याच्या बळाचें कवतूक करता आनी बळिश्टांच्या पोक्या कर्तुबाचेर खंत प्रगट करता.

राजयाच्या ह्या संग्रहांत चडश्यो प्रेमकविताच आसा. हे पिरायेर प्रेमाचो आविष्कार काव्यांतल्यान जावप सभावीक आसा. ही प्रेमभावना वेगवेगळ्या रूपांतल्यान प्रगट जाल्या. केन्ना वाट पळोवपाची उमळशीक जाल्यार केन्ना दुकां गळोवपी खंत, केन्ना भेट घडपाची उत्कटता जाल्यार केन्ना फटवणेंतल्यान आयिल्ली निर्शेवणी, अशी मोगाचीं विविध रूपां तागेल्या कवितांनी दिसतात.

तेन्याकय लागलां / मोगापिशें
काळीज पळे तकलेर घेवन
वान्या वांगडा / धोलता कशें

राजयाची ही कविता वाचून, मेरी गो रावंडाचेर घुंवताना काळजांत "कल्ल" जाता तशें म्हाका जालें. इतलें नकसूद प्रतिक आडवादानूच पळोवपाक मेळटा.

"पावसफुलां" हे तागेले आरंभाचे कवितेंत प्रतिकां आनी प्रतिमांचो बेसबरो वापर जाला. प्रेमाची अवस्था तातूंत सहज सुलभ उतरांनी मांडल्या.

राजयाचे कवितेंत खूब बरे गूण आसात पूण एक दोश म्हाका जाणवलो. तो उतरांकडेन खेळटा कसो दिसता. ताणे विचाराकडेन अदिक लटाफट करपाची गरज आसा.

तागेल्यो "हांव अभागी" सारक्यो गीताच्या प्रकाराकडेन झुकपी कांय रचना संग्रहांत आसात. म्हाका दिसता, राजयान गीतप्रकाराचो अदिक खोलायेन अभ्यास केल्यार ताका गीतरचनेची कळाशी होलमूंक शकता. कारण एके फिशाल फुलकान्नीन वावळेर फुलां गुंथची तितक्या सहजपणान आनी सुरेखपणान ताच्यो कांय काव्यपंक्ती उतरल्यात.

आयज ल्हान ल्हान इनामांनी वाखणलेली राजयाची कविता मुखार पुरस्कारांनी गौरवाक पावतली हाचेविशीं दुबाव ना. पुरस्कारां बरोबर लोकांच्या काळजाच्या करंडांत रावपाचें भाग्य तिका लाबूं.

**- पुंडलीक ना. नायक**

वळवय - गोंय

# थोडो पावस... थोडीं फुलां...

## यादिंचो पावस...

आयज हीं 'पावसफुलां' तुमच्या हातांत दितना म्हज्या मनांत यादिंचो पावस पडटा. हांव आठवेक आशिल्लों तेन्ना म्हजो डॅडी भायर पडलो... आनी मन तेन्नासावन विचारांचे बांयत बुचकळ्यो खावंक लागलें. घडये तेन्नाच हांवें म्हज्या मनांतल्या विचारांचो उजो पालोवंक कवितेक चड लागीं केली जावंये. तसो हांव सातवेक आसतनाच कविता बरोवंक लागिल्लों. पूण त्यो कविता सांबाळून दवरपाची संवय नाशिल्ली. देखूनच म्हजीं आदलीं काव्यफुलां निश्काळजीपणाच्या पावसांत व्हांवन गेलीं. जेन्ना धावेक पावलों तेन्ना काव्याविशीं खूप कितें वाचलें, आयकलें, समजून घेतलें आनी देखूनच तेन्नासावन आयजमेरेन फुलिल्लीं सगलीं काव्यफुलां म्हज्या 'पोरसांत' तशाचे तशीं असात .... ताजीं टवटवीत!

म्हाका केन्नासावन साहित्याची रूच लागली, हाचेविशीं हांवें आवयक विचारलें तेन्ना तिणें सांगलें की आमगेर कितेंय कागदांत गुठलावन हाडलें म्हणटकीच हांवें खंय ती वस्त सोडोवप आनी तो कागद घेवन वाचपाक बसप. म्हजे आवयकय साहित्याची खूप आवड. घडये तिचेचकडल्यान ती म्हज्यांत आयल्या जावंये.

कॉलेजींत पावतीक हांवें ह्या मळार कितलींशींच इनामां हातासलीं. थंय म्हाका मार्गदर्शक शिकोवपी मेळळे. तुस्त - तोखणाय करपी इश्ट इश्टीणीं मेळळ्यो. थंय तरांतरांचे अणभव मेळ्ळे... म्हाका 'हात दिवपी' मेळ्ळे... म्हजे 'पांय ओडपी' मेळळे! हांव दोगांयच्या उपकारांत आसां. हात दिवप्यांनी 'आदार' दिलो म्हण, आनी पांय ओडप्यांनी 'स्फूर्त' आनी 'शक्त' जागयली... वाडयली देखून!

## उपकाराचीं फुलां...

'पावसफुलां' तुमच्या हातांत पावमेरेने म्हजेपरस हेरांनीच घेतिल्ल्या त्रासांक चड मोल फावो जाता. त्या सगल्यांनी म्हाका आपलोसो समजून उक्तेपणान तेंको दिल्ल्यानच हांव आयज ह्या मळार उबो रावंक

शकलां. आपल्यांचे उपकार मानप नासतात अशें म्हणटात. तरी म्हज्या कर्तव्याची जाण दवरून हांव उपकार मानपाचे रितीक पाळो दितां. सगल्यांत सुरवेक हांव गोवा कोंकणी अकादेमीच्या उपकारांत रावतां. तिचेच 'पयलों चंवर' हे येवजणेखाला हें पुस्तक जल्माक आयलां. श्री. पुंडलीक नारायण नायक हांणीं ह्या पुस्तकाक फकत प्रस्तावना बरयल्या म्हणूनच न्हय, तर एक पुस्तक छापतासतना खंयच्यो गजाली नदरेआड करूंक फावनात हें समजावन दिल्ल्यान हांव तांच्या अनंत उपकारांत रावतां. जैत प्रकाशनाचे धनी श्री. भिकू बोमी नायक हांणी म्हज्या 'पावसफुलां'च्यो कळ्यो पुरायपणान फुलमेरेन जायते कश्ट सोंसले आसतले हाचीय म्हाका जाण आसा. तांचे उपकार दरेक खिणाक याद जातात. वेळांत वेळ काडून म्हज्या बरपावळींतल्यो चुको सुदारून दिवपी प्रा. माधवी सरदेसाय हांच्या उपकारांत रावपांत म्हाका व्हड खोस भोगता. ह्या पुस्तकाक सोबीत मुखचित्राचें आंगलें चडोवन चित्रकार श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार हांणीं म्हज्या पुस्तकाची लज राखल्या. देव तांकां बरें करूं! तशेंच सम्राट प्रिंटर्सचे धनी श्री. श्रीकांत आमोणकार हांणीं ह्या पुस्तकाक बेस बरें सोबयिल्ल्यान तांचे उपकार हांव कशे विसरत?

निमाणेकडेन, म्हजीं हीं पयलीं वयलीं 'पावसफुलां' तुमकां मानवतलीं आनी हांव तुमच्या तुस्तफुलांक पात्र थारतलों अशी आस्त बाळगून म्हज्या सगल्या वाचप्यांक हांव देव बरें करूं म्हणटा.

**राजय रमेश पवार**

ढवळी - फोंडें, मार्च १९९५

# मां ड ा व ळ


पावसफुलां ..... १
पावस ..... २
शुन्यांतल्यान विश्व जाता ..... ३
घोंटेरांतलें सवणें ..... ४
नथुरामा तुजे उपकार जाले ..... ५
रातराणये ..... ६
बांद ..... ८
कावळो ..... १०
खिणयाळीं सपनां ..... ११
हॉरायझन ..... १२
घाय ..... १३
ताळयो ..... १४
म्हजे उपरांत ..... १५
लव्ह इज ब्लाइंड ..... १६
पिशेपणां ..... १७
दोन दोळे ..... १८
आतां कितें करूं? ..... १९
आवाजाचे रंग ..... २०
मनीस ..... २१
दनपार ..... २२
गवाय ..... २४
पुनर्जल्म ..... २५
म्हजी जीण ..... २७
ताच्यो यादी ..... २८
काजुले ..... ३०
पावळेंतलो एक थेंबो ..... ३१
दुकां ..... ३२
भूक ..... ३३
झाड ..... ३४

म्हाप्रस्न ..... ३५
उलो ..... ३६
कापसाची बावली ..... ३७
लोक ..... ३८
एक घर कोसळूंक पावलां ..... ३९
मोग ..... ४२
जाप ..... ४४
पोरसूं ..... ४५
कवीत ..... ४६
कुड्डो भावार्थ ..... ४७
हांव अभागी ..... ४८
विश्वासघात ..... ५०
तारीक ..... ५१
भुरगेपण ..... ५२
असो हांव, कसो हांव ..... ५४
घोंटेरांतलो संवसार ..... ५६
मोग तुजो चवकोनी ..... ५७
तुजी याद ..... ५८
जग हें उरफाटें ..... ५९
सूर्य ..... ६०
चन्न्याचे रातीं ..... ६१
चंवरां ..... ६२
कॉंक्रिटाच्या जंगलांत ..... ६७
अंतर ..... ६९
तेन्ना आनी आतांय बी ..... ७१
भोंवरो ..... ७२
मोगा तुजी याद ..... ७३
प्रस्न ..... ७४
अहंकार ..... ७५
किम्मत ..... ७६
जोड आनी मोड ..... ७७
पावस असो, पावस कसो ..... ७८

# पावसफुलां

म्हजें फूल घेतना
तुजो हात थरथरलो
मनांत म्हज्या तेन्नाच
एक पावस शिरशिरलो

एक फूल तुज्या मनांत
म्हज्या मनांत एक फूल
खिणाखिणाक फुलांनी त्या
एकामेकांक घाली भूल

अशीं फुलां फुलतना
आकांताचो पावस पडलो
व्हांवत गेलीं पावलां तुजीं
तांकां सोदीत हांव रडलों

जेन्नासावन पडला एक
फुलांपावस... तुज्या गळ्यांत,
तेन्नासावन व्हांवत आसात
पावसफुलां... म्हज्यां दोळ्यांत !

# पावस

तें आयलें
तेन्ना पावस पडलो
काय...
पावस पडलो तेन्ना तें आयलें?....

तें आयलें
आनी पावस पडलो
ताच्या दोळ्यांतल्यान.

ताणें शेवटिल्लीं
उतरांचीं कुपां
म्हज्या कानार आपटलीं.
तेन्ना
मनांत एक जोगूल पेटलें
आनी पावस पडलो
म्हज्याय दोळ्यांतल्यान.

पावस...
म्हज्याय दोळ्यांतल्यान पडलो
म्हण तें गेलें बेगोबेग
काय...
तें गेलें म्हण
पावस पडलो
म्हज्याय दोळ्यांतल्यान?....



# शुन्यांतल्यान विश्व जाता

कसलोच
ना वालोर
म्हण
तूं
शुन्या उडयत गेलो...
तींच
पुंजावन
यत्न लावन
हांव
आंकडे घडयत गेलों!

शुन्यांतल्यान
विश्व जाता
आतांच
तुका कळटा?
म्हजे आंकडे
पळोवन आतां
म्हजेर
कित्याक जळटा??

# घोंटेरांतलें सवणें

घोंटेरांतलें सवणें आयज, दिगंतराक गेलें उडून
जाचेकडल्यान शिकलें उडप, ताकाच आयज गेलें सोडून

तें घोंटेरांत नाचतालें, खिदळटालें हांसतालें
भिजले दोळे आवयचे, खिणाखिणाक याद काडून

काळोख जाला घोंटेरांत, सगलो सैम पडला किण्ण
घसघशीत फुलिल्लो, चंवर आयज गेलो इनडून

वादळ - वारें व्हांवतलें, खंय खंय तूं धांवतलें
आवय ताची आड्डता, घोंटेरांत यो गो उडून

अशेंच हें घडत आयलां, 'आवय' तूं रडनाका
ताच्याय घोंटेरांतल्यान सवणें, वतलें ताका एकटें सांडून.

# नथुरामा तुजे उपकार जाले

नथुरामा...
तुंवें
म्हाका
तेन्नाच मारून
म्हजेर उपकार केले!
ना जाल्यार
आतां
सदांच उठून
"हे राम..."
म्हणचें पडटलें आसलें

# रातराणये!

काळखी लास
रातची हांस
वाऱ्यार वास
रातराणये!

म्हाका भुलय
खूब उलय
रात फुलय
रातराणये!

तूंच तन
तूंच मन
तूंच धन
रातराणये!

तुज्या दर्यार
मन वाऱ्यार
कोण थाऱ्यार
रातराणये?

म्हाकाच कशें
रातचें अशें
तुजेंच पिशें
रातराणये?

वारें येता
सांबाळ आतां
तोल वता
रातराणये!



# बांद

आपलें 'उदक'
तुजेच म्हज्यांत
व्हांवोवंक सोदतल्या
ह्या व्हाळाक
तुंवेंच 'बांद' घाला
आयज
तुजे म्हज्यांत
आशिल्ल्या
त्या
सार्वजनीक
तळयाच्या
भरवंश्यार!
पूण
मुखार जेन्ना
तुज्या
त्या तळयाचें
'उदक' सुकतलें,
तळें आट्टलें.... तेन्ना!

तेन्ना तूं
बिनधास्त यो
फाटलें सगलें विसरून
आनी
मोडून घाल हो 'बांद'
म्हजें 'उदक'
तुजेच खातीर
व्हांवतलें
घसघश्यांनी

# कावळो

आंगणाचे मेरेर
एक कावळो
कांवरेतालो सकाळसावन.

ताका जेन्ना
भाकरेचो कुडको घालो
तेन्ना तो
कांवरेपाचो बंद जावन
त्या भाकरेच्या कुडक्याक
पळयत रावलो
कितलोसोच वेळ

आनी उपरांत...
भाकरी खायनासतनाच
गेलो उडून!

म्हाका दिसता
ताच्याय मनांत
प्रस्न उप्रासलो जावंये
"... हो भाकरेचो कुडको
हिंदूचो काय मुसलमानाचो?"

# खिणयाळीं सपनां

जिणेचे
दर्यादेगेर
सपन पावलां
दसयलीं,
पूण
अपयेसाच्या
ल्हारांनी
एकार एक
पुसयलीं.

# हॉरायझन

हॉरायझन...
मळब
जंय
धर्तरेचो
उमो घेता
थंय

हॉरायझन...
पुरायपणान
दुराय भरिल्लें
एक मेळप

आनी...
तुजें म्हजें
मेळप लेगीत
एक हॉरायझन.

# घाय

तुवें
म्हज्या काळजाचेर
केल्लो घाय
आजूनय
पेकना...
तो
पेकता आसतनाच
तुजे यादिंचो
हात येता
आनी
ताचेर मांडिल्ली
खवळी काडून
घाय
पर्थून व्हांवयता...
देखूनच
तुंवें
म्हज्या काळजाचेर
केल्लो घाय
आजूनय
पेकना...

# ताळ्यो

तांच्यांनी उलोवपां केलीं
आनी आमी
वर्सानेमाप्रमाण
फकत
ताळ्यांचेर ताळ्यो मारल्यो!
ते उलोवपां करीत गेले
आमी
ताळ्यो मारीत गेले...
म्हाकाय दिसलें
उलोवप करचें
ताळ्यो मारून घेवच्यो...
देखून
हांवेंय उलोवप केलें
पूण तांच्यांनी
ताळ्यो तर मारल्योच नात
ताळयेर मात खूब कितें
शेंवटून मारलें!

# म्हजे उपरांत

म्हजे उपरांत म्हजे खातीर, कोणच तुमी रडनाकात
आतांच रीण खूब जालां, आनीक रिणांत घालनाकात

भुकेच्या वतांत बसून, कितले जीव करपले
तांची चूल पेटले शिवाय, म्हजी कूड लासनाकात

वेंतभर कपडयाखातीर, आशेतात उगडे जीव
म्हजी कूड धांपचे खातीर, कफन आनी घालनाकात

उमेदीन धोलत वाऱ्यार, फुलां बाबडीं जगतात जीण
मेल्ली कूड सोबवचेखातीर, जितीं फुलां तोडनाकात

हांव जिवो आसतना, जिणेक वास आयलोच ना
आतां चंदनाच्या लाकडांनी, सरण म्हजें रचनाकात

'गरीब तोंड' आं करून, उश्टया वाऱ्यार भोंवत आसा
मनीस भुकेला रे म्हजें, वावळयाक पिंड वाडनाकात

तुमी म्हजें मागलें बरें, उतरां गेलीं वाऱ्यार उडून
सोंपत आयली जीण म्हजी, आनीक बरें मागनाकात.

# लव्ह इज ब्लाइंड

रागाक जशे
दोळे नासतात
तशेच,
मोगाकय खंय
दोळे नासतात...
'लव्ह इज ब्लाइंड'
खरेंच तें!
ना जाल्यार
तूंय
भोंवचें नाशिल्लें...
पयल्याक सोडून
दुसऱ्या फाटल्यान...
दुसऱ्याक सोडून
तिसऱ्या फाटल्यान...
आनी,
अशेंच मुखार मुखार...
पूण ती
तुजी चूक न्हय!
आफ्टर ऑल
'लव्ह इज ब्लाइंड'

# पिशेपणां!

शाणेपणां सांगतल्या
पिश्याक
पिसो म्हणप
शाणेपणाचें?
काय
पिशेपणां करतल्या
शाण्याक
शाणो म्हणप
पिशेपणाचें?

# दोन दोळे

कुस्कूट पडटकीच
एक दोळो रडटा
आनी
ताका धड
पळोवंक लेगीत
शकना आशिल्लो
दुसरो दोळो
ताचेवांगडा
आपूणय
कित्याक
रडटा
काय?

# आतां कितें करूं?

हे महात्म्या!
तुंवें सांगिल्लें
'एका पोल्यार मारतकीच
दुसरोय मुखार करचो'

हांवें तशेंच केलें
म्हज्या
उजव्या पोल्यार मारतकीच
दावोय मुखार व्हेलो
पूण ताणें...
तोय फोडलो

आतां कितें करूं?
ताचे पोले फोडूं?
काय
परतून
उजवो मुखार व्हरूं???

# आवाजाचे रंग

देवा!
कोगळेक दिलो
रंग काळो
आनी रंग काळो
कावळयाकय
पूण
आवाज गोड
कोगळेचो
सगल्यांकय जाय जाय
बापडया कावळयानच
आदल्या जल्मांत
कसलें पाप
केल्लें
काय?

# मनीस

मनीस
एक असो प्राणी
जो
जल्माक येतना रडटा
आनी सगले
ताचेखातीर
खोशी जावन हांसतात
पूण तो मात...
मुखारय रडतच रावता
ताचेखातीर
दुसरे रडपाक लागतात
तो मेरेन!

# दनपार

दनपार ...
सकाळ गिळटा
आपूण जळटा
दनपार...
धग भोंकता
सांज ओकता
दनपार...
भणभणटा
सणसणटा
दनपार...
धगधगता
भगभगता
दनपार...
तापता
दनपार...
तोपता
दनपार...
लखलखता

रखरखता
दनपार...
भासयता
दनपार...
लासयता
दनपार...
हुमेता
दनपार...
इनेमेता
दनपार...
पारपळ
दनपार...
बेवारशी



# गवाय

म्हजे
सपन सुंदरेची हांवें
गावची कित्याक सोबीतकाय?
ताचें
हारशांतलें बिम्ब लेगीत
करता ताची नसाय!

# पुनर्जल्म

फांतोड .... सकाळ
उपरांत दनपार ... सांजवेळ
मागीर तिनकात्र... मदयानरात
गुपाट काळोख ... तरी पूण
पर्थून फांतोड उजवाडटा!
फांतोड...
आवयच्या पोटांत
जल्म घेतल्या भुरग्यावरी!
सकाळ...
धिमकुऱ्यांनी धांवतल्या
बाबुल्यावरी!
दनपार...
सळसळटया रक्ताच्या
तरणाटयासारकी!
सांजवेळ...
लग्न जावन
न्हंयचे देगेर बशिल्ल्या
जोडप्याभशेन!

तिनकात्र...
हातांत बडी घेवन
मर्णाचे दिकेन वतल्या
जाणटेल्या सारकी!
आनी मदयानरात...
सरणाचेर न्हिदिल्ले
ते मेल्ले कुडिवरी!

# म्हजी जीण

जीण उबी करतलों म्हण
हांव उबो रावलों
उपरांत
खूब धांवलों
खर्शेलों
थांबलों
थांबून परत धांवलों...
वाटेवेले
अपयेसांचे
फातर आपटले
आनी
हांव सकयल पडलों
पडून परत आपटलों
हें अशेंच चल्लें....
शेवटाक
जीण 'उबी' जालीच ना
हांव मात
जिणेसकट 'आडवो' जालों!

# ताच्यो यादी

सांजवेळार
मळबाचेर तांबशी रकता
तेन्ना म्हाका
ताची याद येता....
ताच्याय तोंडार
अशीच तांबशी रकताली
तें रागान फुलतालें तेन्ना...

हो चंद्रीम
चडच चकचकता
तेन्ना म्हाका
ताची याद येता
ताचेय दोळे
अशेच चकचकताले
म्हाकाच पळयत रावतालें तेन्ना...

आनी...
फांतोडेची सुलूस लागतकीच
एक एक नकेत्र
मळबाआड वता
तेन्नाय म्हाका
ताचीच याद येता
तेंय अशेंच
एक एक पावल
म्हजेकडसून पयस वचत आशिल्लें....

# काजुले

काजळी वाट
पळोवन आमी
धिपरां तेकयलीं!
काळखी इनाडार
काजुल्यांनी
मोतयां पिकयलीं!

काजुले
पेटोवन कुले
काळखी
कापीत गेले!
काळखांतले
आमचे उले
काळखांत
घुस्पत गेले!

# पावळेंतलो एक थेंबो

एक थेंबो तुजेखातीर
एक थेंबो म्हजेखातीर
पावळेंतलो एक थेंबो
तुज्या म्हज्या मोगाखातीर

खूब सतयलें तुका
दोळयांनी भरलीं दुकां
पावळेंतलो एक थेंबो
दोळयांतल्या दुकांखातीर

हरेक थेंब्यांत भरल्या याद
हरेक थेंबो घालता साद
पावळेंतलो एक थेंबो
एके एके यादिखातीर

पावळेंतल्या थेंब्या येत राव
याद ताची दीत राव
पावळेंतलो एक थेंबो
पावळेंतल्या थेंब्याखातीर

# दुकां

म्हजे कुडीचेर
घातिल्लें धवें
दुकांनी भिजलें
तेन्ना
हांव चिंतपाक पडलों...
"खंयचे दोळे
रडले काय
ह्या गरिबाखातीर?.."
म्हज्या मनाचे
दोळे उक्ते
करतकीच कळ्ळें...
म्हजें खोपूट
म्हाका रडटालें ..
वयल्या चुट्टांक
फुटिल्ले दोळे
उदक इनरपयताले....
भायर
पावस पडटालो!

# भूक

भूक...
गिरेस्तागेर सोदनाका.
ती गरिबांगेर आसता!
डायनींग टेबलामुखार
बसून
मनाक येवजता
तें खावप
म्हळ्यार 'भूक' न्हय...
ती 'रूच'!
तांकां तिचीच भूक!
पूण जिचेखातीर
गरिबाचें
उगडें भुरगें
खोंपटेच्या दारांत
बसून रडटा
पोटांतल्यान
तीच खरी 'भूक'
तिका 'रूच' नासता!

# झाड

वत माथ्यार येतकीच
आमकां सावली
झाडाची
तें बाबडें करपत चल्लां
ताका सावली
कोणाची?

# म्हाप्रस्न

आमच्या
मनाचे कुंणगेंत
प्रस्नुलेचीं रोपलां
कित्याक पसवतात?...
होच
म्हाका एक
'म्हाप्रस्न' पडला!

# उलो

आयज येतलो
फाल्यां येतलो
वाट पळोवन पळोवन
नदरेचीं पानां सुकलीं
'मोगाऽऽ...'
आतां निमणो उलो मारतां
यो बेगीन
धांवत
कळवळत
म्हजेखातीर
आनी
काळजांतल्या
मोगाचे बांयत
बुचकळ्यो मारून
सगलें उदक
खदूळ करून उडय
सासणाचें...

# कापसाची बावली

तूं वाऱ्यावांगडा आयली
जशी कापसाची बावली
आनी म्हाका गावली
म्हजे वांगडा रावली
आनी एक दीस...
आयली तशी गेली
वाऱ्याभशेन धांवली
खंयचे खंय पावली
मनसतोवणी करपी
तुजी याद येत रावली...

# लोक

'लोक'...
कितलो विक्षिप्त!
चड उलयल्यार
बडबडो...
पेज कशी रकता...
अशें म्हणटात.
उलयलोच ना
जाल्यार
मोनो...
एकमुळो खंयचो...
अशेंय म्हणटात,
मान वयर करून
चलल्यार
... नेट मारता!
आनी खूब कितें
मान सकयल घालून
चलल्यार म्हणटात
सदांच सुकिल्ल्या तोंडाचो!
खरेंच!
लोक सामको विक्षिप्त
कितेंय म्हणटा!

# एक घर कोसळूंक पावलां

ह्या घराचो
घरधनी
आतां
फ्लॅटांत रावता
पूण
बाबडें घर मात
दार उगडें दवरून
वाट पळयत आसा
केन्नासावन!
ताका
घडये
लज दिसता जावंये
ह्या कुरकुटांत रावपाची...

ताच्या
पावलांचो आवाज
आयकूंक
घरापाखें
कान फाकारून राविल्लें
पूण
ताचीं पावलां
दिसलींच नात.

ताका...
घरापरस
फ्लॅटच जर
चड भावता
जाल्यार
घरानय म्हण
कित्याक वाट पळोवची?

आतां...
घरापारखें बरगेलां
वाश्यांक
बरड लागला
वणटींक
चिरो पडल्यात
... घर कोसळूंक पावलां!

कोसळूं दी ताका
जावं दी मातये भरवण!
ते निमतान तरी
घरधनयाचीं
पावलां
पावल्यार
पावलीं...

# मोग

१.

जेन्ना मोगांत बुडून
एकामेकांक
चिर्मुल्यांनी वेंग मारली
गोडासकट;
चिर्मुल्यांचो लाडू
जालो
कुरकुरीत
चिकट चिकट!

२.

ह्या सरसरत्या
पावसाच्या दिसांनी
तेच्याकय लागलां
मोगापिशें...
काळीज पळे तकलेर घेवन
वाऱ्यावांगडा
धोलता कशें!

३

मोग

म्हळयार

फोग

थोडयांचो

पेट्टा

थोडयांचो

शेळेता

# जाप

हांवें
हारशांत पळोवन
म्हजे म्हाकाच
प्रस्न विचारलो
'जीण म्हळ्यार कितें?...'
हारशांतल्यान
ताणेंय म्हाका
तोच प्रस्न विचारलो
हांव ताका
सांगूंक सोदतालों
'म्हजेलागीं जाप ना...'
इतल्यांत,
हारसो जमनीर
पडून फुटलो...
म्हाका जाप मेळ्ळी!

# पोरसूं

ताचो साद आयकतकीच
म्हज्या मनांत
पावस इनडटालो
आनी काळजांतल्या पोरसांत
किल्लतालीं
कितलीशींच खोशयेची रोपलां

पूण आतां...
ताचो साद आयकूंक येना
देखून तो पावसय इनडना.
म्हज्या मनांत
आतां किल्लनात
तीं खोशयेचीं रोपलां
तांचें बीं ना भात
आतां... म्हज्या मनांत
दरेक खिणाक
शिंवरतल्या दुकांच्या पावसांत
काळजांतलें पोरसूंय
व्हांवन गेलां
खंयचे खंय...



# कवीत

तुमी म्हणटले
हांव
कवीत बरें घडयतां,
खरें तर
मन म्हजें
शब्द - दुकां इनडयता.

# कुड्डो भावार्थ

चवथी दिसा
चंद्रीम दिसतकीच
आमचें खंय
वायट घडटा
पाड पडटा.
चंद्रीम
आमचें कांयच
वायट करना
पाड घालना
पूण
आमी मात
चंद्रीम दिसलो
म्हण
दुसऱ्यांचीं इनाडां
हुमटावन
तांचें पाड घालतात!

# हांव अभागी

सदींभाशेन आयज ती, याद येवन गेली
सुक्या म्हज्या दोळयांनी, दुकां दिवन गेली

दिसा उपरांत येता रात, जाता परतून दीस
म्हजे जिणेंत राती उपरांत, रातच येवन गेली

म्हाका तुमी केलो पयस, अतिताय कसली
म्हाका म्हजी सावळी लेगीत, एकटो करून गेली

सोबीत सपनां पळयलीं, पूण रंग हांवें भरलेच ना
रंग भरचेआदींच सपनां, म्हाकाच सोडून गेलीं

तुमी म्हाका दिलीं फुलां, हांवेंय तीं आपणायलीं
तींच फुलां कांटे जावन, काळजाक तोंपून गेलीं

म्हजेसरशीं रडलीं मनां, हांवें तांकां हांसयलें
सगलीं गेलीं हांसत, पूण म्हाका रडोवन गेलीं

उदेंतेचो वांगडी हांव, वाट पळयली सूर्याची
म्हजो सूर्य उदेलोच ना, पूण अस्तम जावन गेली

हांव अभागी हांवें म्हजे, मरणदेवीक आपयली
कूड म्हजी सांडून फकत, मनच घेवन गेली.

# विश्वासघात

मन म्हजें
जावन पतंग
सपन मळबांत
उडलें...
जाणें
पतंग सोडिल्लो
ताणेंच
सूत तोडलें

# तारीक

आमची जीण
जावन कॅलेन्डर
वणटीचेर हुमकळटा,
एक तारकेक
दिता धेंकर
तीस तारकेक
वळवळटा!

अशे तरेन
वर्साक आमचेर
दरेक म्हयनो
घालता घाय,
एक तारकेचे
राजा आमी
तीस तारकेक
जातात शिपाय!

# भुरगेपण

कामेच्यांचीं भुरगीं
एकामेकांच्या
आंगार
माथ्यार
केसांत
रेंव उडोवन खेळटना
म्हज्या मनांत
कोनशार न्हिदिल्लें
म्हजें भुरगेपण
जागें जाता
तेन्ना
हांव
तांकां
लक्तुबायेन पळयतां
आनी
म्हजे हात

रेवेंत वचूंक आशेतात
पूण हांवच तांकां
दावें घालतां
आनी भुरगेपणाची
आनीक एक कोमरी
पिसडून उडयतां
सासणाची...

# असो हांव, कसो हांव

असो हांव कसो हांव
मंत्री म्हजें नांव
सपनांत लेगीत मारतां हांव
पयशां फाटल्यान धांव

एका तेंपार पयलीं हांव
विकतालो रे पाव
जेन्ना मंत्री जालों हांव
पदेर जालो सगलो गांव
असो हांव... धांव

एकदांचो मंत्री जातां हांव
कामां घेवन येता गांव
सरळ तांकां सांगता हांव
आतां तुमकां वागान खांव
असो हांव ... धांव



कोणाचो भाव कोणाचो मांव
तांकां ओर्‍हाद सांगतां हांव
बंद कर तुजी कांव कांव
सध्यां खूबच बिझनी हांव
असो हांव ... धांव

खरेंच!.... अक्कलशुन्य सगलो गांव
जेन्ना लागीं येता इलेसांव
घरान घर भोंवतां हांव
कितलेंय हांवें तांकां सतावं
सगले म्हजेर घालतात बेंसांव
आनी!... पर्थून एकदां मंत्री हांव
असो हांव ... धांव

# घोंटेरांतलो संवसार

घोंटेरांतलो संवसार
दोन बडयांचो!
त्यो बडयो फाफसून
खांदयांचेर झिरकतात
ते मेरेनचो...

घोंटेरांतलो संवसार
दोन चोंचींचो!
एक चोंच
दुसऱ्याची भूक भागयता
ते मेरेनचो...

घोंटेरांतलो संवसार
दोन पिलांचो!
तीं पिलां
उडपाक लागतात
ते मेरेनचो...

घोंटेरांतलो संवसार
त्या पिलांवरीच!
एक दीस
वाऱ्यार उडून वचपाचो...

# मोग तुजो चवकोनी

तेन्ना दिसतालें
तुजो मोग
चवकोनी!
साकरेवरी
गोड गोड...

पूण...
आयज कळ्ळें!
तो बेटोच भास.

तुजो मोग
आयज लेगीत
चवकोनीच आसा
पूण...
मिठाचे कणयेवरी!

मात्शी
ओलसाण
लागली म्हणटकीच
... तेंवेवपी
... विरगळपी!

# तुजी याद

तुका
विसरूंक
घेतिल्लो
हातांतलो
सोऱ्या ग्लास
जेन्ना
जमनीर
पडून
फुटलो...

म्हज्या
काळजावरीच!

तेन्ना
म्हाका
पर्थून
तुजी
याद
आयली!

# जग हें उरफाटें

निसरत निसरत
कणार कण रचता
तूं आपलेपासत
घर उबें करता

घेता त्रास कोण
येस कोणाक गावता?
तूं बांदता रोयण
येवन सोरोप रावता

मुये चलता आयक
जग हें उरफाटें
फुलां चोरतल्याक
मागतल्याक काटे

# सूर्य

१.
वतां वतां सूर्यान
मळबाचेर एक फुलयलें
देखून अशें सांजवेळार
मळब तांबडें गूंज जालें

२.
सुर्यान म्हाका सकाळीं
दिली लांब सावळी
दनपार जायनाफुडें
तिका मुळासकट गिळली

३.
लाकडां गेलीं भिजून
चुलीर कांयच शिजना
पावसाच्या दिसांनी
सुर्या कसो भिजना?

# चान्न्याचे रातीं

चान्न्याचे रातीं
म्हजे भोंवतणचो
काळोख
अचळय नाच जाता...
म्हज्या
पेंगतल्या दोळ्यांतली
न्हिदय वता उडून,
खंयतरी
शुन्यांत
नदर थिरावता
तेन्ना म्हजें मन
घुस्पता
तुज्याच यादिंनी
फांतोड जायमेरेन...
म्हजे जिणेंत
ही चान्न्याची रात
सदां येता!

# चंवरां

१.
हांवें तुका लायली 'तिकली'
म्हाका पिशाक नाशिल्ली 'तकली'!

२.
तुज्या हयकाराची वाट पळयली,
थंयच म्हजी वाट लागली!

३.
तुमकां मेळलो मान
जेन्ना आमी मान हालयली,
आमी मागलो मान
तेन्ना तुमची कित्याक मान धरली?

४.
ताणें म्हळें म्हाका
जायो जायो तुका,
हांवें म्हळें ताका
नाका जायो म्हाका!



५.

ल्हानपणांत
दोतोर येतालो
म्हाका 'कुट्ट' करतालो.
जाणटेपणांत
हांव 'कुट्ट' करतां
म्हण दोतोराक येवचें पडटा.

६.

थोडे परकी आपलेशे दिसतात
पूण ते परकीच;
थोडे आपले परकीशे दिसतात
देखून तेय परकीच!

७.

जेन्ना
आपले सगले लिपले;
तेन्ना
परके जाले आपले!

८.

दिसता तशें नासता
अशेंच जर आसता;
जाल्यार ज़ें नासता
तें तरी कित्याक दिसता!

९.

धा सरले
पांच उरले
म्हणटात जाणटेले,
हांव म्हणटां
तुमचे फकत
पंदराच आशिल्ले?

१०.

खरें,
मेलेबगर सर्ग दिसना!
पूण...
सर्ग पळोवंक कोण मरना!

११.

हाड नाशिल्ली जीब जर
कितेंय उलयता!...
जीब नाशिल्लो मनीस
कित्याक असो नुलयता?...

१४.

आतांचे दुदकार
सदांच उदकार

१५.

गिरेस्तांचीं बोल्सां जड
गरिबांच्या बोल्सां रड

# काँक्रिटाच्या जंगलांत

काँक्रिटाच्या जंगलांत
नितळ वारें खेळचें
मागून आयलां तितलें तरी
जगूंक थंय मेळचें

काँक्रिटाच्या जंगलांत
पांचवें सपन फुलचें
पांचवें सपन पळेतना
सवण्यांनी भुलचें

काँक्रिटाच्या जंगलांत
एक चमत्कार जावचो
देवळांतल्या फातरांनी
देव येवन रावचो

काँक्रिटाच्या जंगलांत
मनशांक मोल येवंचें
मोल पयशाक आशिल्लें
सगलें पोल जावंचें

कॉंक्रिटाच्या जंगलांत
'मनीस' येवन रावचो
आनी सगल्या जंगलाचो
सोबित गांव जावंचो

कॉंक्रिटाच्या जंगलांत
वायट सगलें जळचें
मनशांमदीं वावुरतना
'मनिसपण' फळचें

# अंतर

तिचे भोंवतणी
कुळाराचे यादिंचीं
कुपां दाट्टात
तेन्ना
तिच्या मनांत पावस पडटा...

तिचे आवयची
आयिल्ली चीट
जोगूल जावन पेट्टा
तेन्ना
तिच्या मनांत पावस पडटा...

आनी
घोवाघरचीं मनशां
मायेचें वारें व्हांवयतात
तेन्नाय
तिच्या मनांत पावस पडटा...

पूण
ह्या पावसा पावसांत
'अंतर' आसता
एक पावस 'घसघसता'...
एक पावस 'शिरशिरता'...

# तेन्ना आनी आतांय बी

तेन्ना...
हांवें हाडिल्लें गुलाबा फूल
तूं केसांत माळटालें
आनी
म्हाकाच पळयत रावतालें
नदर हालयनासतना!
हांव
आतांय
घेवन येतां गुलाबा फूल
तुजेखातीर...
तुज्या फोटयाक घालचेखातीर...
आतांय बी
तूं
म्हाकाच पळयत रावता
नदर हालयनासतना!...

# भोंवरो

रातभर
कमळावेंगेंत
म्होंवारस
चिंवलो!
दुसऱ्या दिसा
दुसऱ्या फुलार
कालचो मोग
न्हिवलो!

# मोगा तुजी याद

मोगा तुजी याद । दर्यांतली लाट
येता दीस - रात । थांबनासतना.

मोगा तुजी याद । म्हाका रडयता
दुकां इनडयता । खिणाखिणाक.

मोगा तुजी याद । पेटयता वात
जागयता रात । दोळ्यांतली.

मोगा तुजी याद । तुजे नदर वाटेक
हें काळीज भेटेक । आशेलां.

मोगा तुजी याद । लायता पिशेंच
तुकाय अशेंच । जावं दी.

मोगा तुजी याद । अशी सतयता
सांग केन्ना येता । उतर दी.



# प्रस्न?

एका
मडवळाच्या सांगण्यान
सत जाणा आसूनय
रामावरीच
हांवेंय तुजो दुबाव घेतलो
पूण...
अग्निपरिक्षा दिवन
सिता जावंक
तूं कित्याक अनमनली?

# अहंकार

सकाळची
लांब
म्हजी
सावळी
पळोवन
गांवभर मिरयत गेलों
हांवच
लांब
जालों
समजून
अहंकार किरयत गेलों
आनी
सावळी
गिळपी
माथ्यार
जसो
दनपारचो लागलो कड
अहंकार
गेलो
लासून
तिगलो ना तेंप चड.

# किम्मत

किम्मत करतना
'परकी'
दरेक चुकलो,
आनी
आज म्हाका
'आपल्यांनीच'
सारको जोखलो.

# जोड आनी मोड

मेळ्ळे
आयते
तेन्ना
मोडले
जायते

आतां
जोडटां
म्हण
चिंतून
मोडटां

# पावस असो, पावस कसो

पावस मंत्री
सगल्यांक तिश्टयता
पावस खेत्री
सगल्यांक भेश्टायता

पावस भिकारी
पिरंगत रडटा
पावस शिकारी
फाट धरून इनडटा

पावस सोयरो
सांगून येना
पावस भयरो
आयकून घेना

पावस सांवार
सगलें कुसयता
पावस हुंवार
सगलें पुसयता

पावस असो
सामको जबर
पावस कसो
पावसाक खबर.



- राजय रमेश पवार.
- १९ जून १९७२ वर्सा काणकोणा जल्म.
- कोंकणी आनी फिलोसोफी विशय घेवन बी. ए. केल्या आनी १९९४ वर्साखातीर फिलोसोफी विशयांत फोंडें म्हालांत पयलो येवपाचो मान जोडला.
- सध्या गोंय विद्यापिठांत एम. ए. चो अभ्यासक्रम चालू आसा.
- १९८४ सावन कविता लेखनाक सुरवात. तशेंच एकांकी, कथा, ललित लेख, निबंद आदी साहित्य रचलां.
- अखिल गोंय पांवड्यावेले "श्रीमती लिलाबाई सातपूते स्मृतिचिन्ह" कविता सर्तित सेगीत तीन वर्सां (डिसेंबर ९२, जानेवारी ९४, सप्टेंबर ९४) पयलें इनाम जोडलां.
- गोंय दुरदर्शनाचेर आनी ऑल इंडिया रेडिओचेर कार्यावळी सादर केल्यात.
- कोंकणींतल्यान विनोदी एकांकी बरोवन त्यो ऑल इंडिया रेडिओच्या 'युवास्पंदन' कार्यावळींत, मद्रासाक जाल्ल्या 'ऑल इंडिया युनिफेस्ट' कार्यावळींत, एकांकी सर्तिंनी तशेंच गॅदरींगांनीं आनी थळाव्या उत्सवांनी सादर केल्यात.
- गोंय विद्यापिठांतल्या कोंकणी विभागाच्या 'कोंकणी सरस्पत मंडळाचे' ९४-९५ वर्साखातीर अध्यक्ष म्हण वावर पळयला.

जैत प्रकाशन

Samrat Printers, Banastarim - Goa. Ph. 287755